Panaji National News

29 May 2026,6.30pm

## उपराष्ट्रपती

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आयज गोव्यात दाखल जाल्यात .फाल्या ३० मे दिसा उपराष्ट्रपती पणजेंत गोयच्या घटक दिसाच्या सुवाल्यात वाटेकर जातले . त्या उपरांत ते गोवा सी एस आय आर- राष्ट्रीय समुद्रशास्त्र संस्थएक भेट दितले..

## धर्मेंद्र प्रधान

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी आयज सांगला की, पेपरफुटीची घटना अत्यंत चूकीची आसा. डीडी न्यूजाक दिल्या खासा मुलाखतीत, श्री. प्रधान हाणी आश्वासन दिला कि , फेरपरीक्षा प्रक्रिया कसल्याच चुकांशिवाय, योग्य आणि पद्धतशीरपणान जातली. हे काम सुरळीतपनान जावचे म्हण सगळयांनी सहकार्य करचे अश्ये आवाहन केला .विद्यार्थ्यांक संबोधित करताना, मंत्री प्रधान हाणी म्हटला की सरकाराक तांच्यो चिंता समजतात आणि त्यांचा वांगडा चुकीचे घडला हे मंत्रांनी मान्य केले.

## सिंह बघेल

केंद्रीय पंचायत राज राज्यमंत्री, प्रा. एस. पी. सिंह बघेल हाणी आयज सांगला कि २०४७ वर्सा मेरेन महासत्ता आणि संवसारांतली मुखेल अर्थवेवस्था घाडोव्पाच्या दिकेन भारताचो प्रवास तळागाळातल्या प्रत्येक व्यक्तिक सक्षम केल्याशिवाय साध्य जाव शकना.. आयज ते गुवाहाटी हांगा पंचायत राज मंत्रालयाच्या 'सेवा से समृद्धी' या सेवा वितरणाच्या प्रादेशिक कार्यशाळेच्या उकटावण सत्रान उलय्ताल्ये .राज्य आणि देशांक सक्षम करपाखातीर गावपातळेर नागरिकांक सक्षम करप ही एक गरज आसा.. .हाचेर मंत्र्यांनी भर दिला.

## एलपीजी

देशांत पेट्रोल, डिझेल आनी एल पी जी चो फावो तो सांठो आसा आनी सगळयो शुध्दीकरण कारखाने वडा पांवड्यार चलतात अशें सरकारान सांगलां. नवी दिल्लींत आंतर मंत्रालयीन पत्रकार परीशादेंत उलयतना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयांतली संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें, एल पी जी उत्पादन सगळया काळांत चड आसा जें दिसाक सुमार 92 हजार मेट्रीक टन आसा. तशेंच खंयच्याच एल पी जी वितरकांत ड्राय-आउट जाल्ल्याची म्हायती मेळूंक ना अशी म्हायती तिणें दिली.

## सशस्त्र सीमा

सशस्त्र सीमा दलान पानितंकी लाग्सार भारत-नेपाळ सीमेचेर खारीबारी भागातल्यान नेपाळत प्रवेश करपाचो यत्न करताना दोन थाई नागरिकांक अटक केल्या. केतला आणि चिंतारा बुद्धफांग ह्यो दोन बायला नेपालान प्रवेश मेळोवपाखातीर बनावट इमिग्रेशन शिक्के वापरतात हे दलाच्या जवानांच्या नदरेक येयेल्या उपरांत तांका काल अटक केल्या .या प्रकरणात कथित रित्या सामील आशिल्या आनी एक व्यक्ती फरार आसा. पोलीस या प्रकरणाचो तपास करीत आसात.

## कलोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशीक खबरां विभागावरवीं वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्लात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेंचे आसा.पिराय 21

ते 50वर्सां मजगती आसची. ताका कोंकणी भाशेचें गिन्यान आसपाक जाय.अर्ज करपाक निमणी तारीक 1 जून 2026 आसा. चढ म्हयती खातीर ७०२०६७२७१० ह्या क्रमांकाच्येर संपर्क करचो.

**क्रिकेट**

आय पी एल क्रिकेट सर्तींत , गुजरात टायटन्स आणि राजस्थान रॉयल्स ह्या पंगडा मधी आयज न्यू चंदीगड हंगाच्या महाराजा यादवेंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मैदानाचेर महत्त्वाचो क्वालिफायर २ सामना जातलो . हो खेळ ७:३० वारांच्येर सुरजातलो .. या सामन्याचो जैतीवंत पंगड आयतरा अहमदाबाद हांगा नरेंद्र मोदी मैदानाचेर जावपी आयपीएल २०२६ च्या फायनल सामन्यात रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूरू कडेन सामनो. जातलो .

**हवामान**

भारतीय हवामान खात्यान नैऋत्य पावसाच्या हंगामांत, जून ते सप्टेंबर ह्या काळांत देशात सामान्या परस उणो पावस पडटलो असो अदमास काडला. आयज नवी दिल्लींत पावसाच्या अदमासा विशीं मिडियाक म्हायती दितना विज्ञान मंत्रालयाचे सचीव डॉ. एम. रविचंद्रन हाणी सांगला कि हंगामांत ईशान्य भारताचेर पावस सामान्य आनी Southern Peninsular आनी वायव्य भारताचेर सामान्या परस उण्या पावसाची शक्यताय आसा अशी म्हायती तांणी दिली. मिडियाक संबोधीत करतना आयएमडीचे महासंचालक डॉ मृत्युंजय मोहपात्रा हांणी सांगलें, जून म्हयन्यांत देशांतलो सरासरी पावस सामान्या परस चड आसपाची शक्यताय आसा. ह्या काळांत वायव्य, ईशान्य आनी दक्षिण Peninsular सयत देशांतल्या कांय वाठारांनीच सामान्य वा सामान्या परस चड पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें तांणी सांगलें.